**जानेवारी-मार्च म्हयन्याखातीर केरोसिन कोटा**

ता. 5 जानेवारी 2021

एलपीजी गॅस कनेक्शन नाशिल्ल्या आनी नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याकडेन नोंदणी केल्ल्या रेशन कार्डधारकांक जानेवारी ते मार्च म्हयनो 2021 काळाखातीर रेशनकार्डा फाटल्यान 10 लिटर केरोसिन निवडक सवाय धान्य दुकानांतल्यान वितरीत करतले. केरोसिन कोटा वितरावपाक 21 फेब्रुवारी 2021 मेरेन मुदत वाडयल्या अशें नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्यान कळीत केला. केरोसिनाचो प्रती लिटर दर सकयले प्रमाण आसा-

तिसवाडी- रू. 34.50, चोडण- रू. 34.50, दिवाडी-रू. 34.50, साश्ट- रू. 34.00, बार्देस- रू. 34.75,खोर्जुवे रू. 34.75, मुरगांव- रू. 33.75, फोंडा- रू. 34.00, केपे- रू. 34.25, दिवचल- रू. 34.75, पेडणे- रू. 35.00, काणकोण रू. 34.50, सांगे- रू. 34.50, सत्तरी- रू. 34.50 आनी धारबांदोडा- रू. 34.50.

केरोसिन कोटा वितरणाविशीं कसलीय कागाळ आसल्यार लावधारकांनी संचालक, नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खाते, 2 रो माळो, जुन्ता हाऊस, पणजी-गोंय वा dir-csca.goa@nic.in, adi-csca.goa@nic.in ह्या ई-मेलाचेर वा 1967 वा 18002330022 ह्या हेल्पलायनीचेर वा संबंदीत तालुक्यातल्या नागरी पुरवण खात्याच्या कचेरीत संपर्क करचो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/17

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji